**अर्थवेवस्थेच्या पुनरुत्थानाचेर लक्ष केंद्रीत करचेः राज्यपाल**

पणजी एप्रील 22, 2020

कोविड-19 महामारीच्या उद्रेकाच्या दरम्यान उदभवलेल्या राज्याच्या अर्थवेवस्थेचो आढावो घेवचे खातीर गोंयचो राज्यपाल श्री. सत्यपाल मलिक हांणी आयज राजभवनांत मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत आनी गोंयचे मुख्य सचीव श्री. परिमल राय, आयएएस हांचे वांगडा बसका घेतली. राज्यपालाचे सचीव श्री. रुपेश कुमार ठाकूर,आयएएस, लेगीत हाजीर आशिल्ले. सुरवातेक राज्यपालान मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी मुख्य सचीव श्री. परिमल राय, आयएएस, गोंय कोविड-19चो प्रसार यशस्वी रितीन केल्ले बद्दल अभिनंदन केले. तशेंच, तांणी राज्यांतल्या अद्दश्य दुस्माना पासून सावध रावपाचो सल्लो दिलो.

राज्यपालान म्हणलें गोंय जरी सद्या कोविड मुक्त आसले तरी लेगीत कोविड-19 च्या उद्रेका लागून राज्य अर्थीक मंदीच्या झटक्यातल्यान सुटिल्लें ना. हे राज्य जरी प्रामुख्यान शेतीप्रधान आसले तरी पर्यटन आनी खण वेवसायांतल्यान भरपूर महसूल येतालें. 2012 साकून अस्तित्वांत नाशिल्ल्या खण वेवसायान गोंयच्या अर्थवेवस्थेक मोठो फटको बशिल्लो आनी आतां कोरोनाच्या कारणान पर्यटन वेवसायाचेर व्हड परिणाम जाल्लो दिसून येता. ते खातीर राज्यपालान मुख्यमंत्र्याक अर्थवेवस्थेच्या पुनुत्थानाचेर लक्ष दिवपाची सुचोवणी दिली. अर्थसंकल्पांत वाड करून अर्थवेवस्थेच्या वेगवेगळ्या क्षेत्रांत जावपी खर्च कमी करचो.

राज्यपालान मुख्यमंत्र्याक शेती वेवसायाचेर लक्ष केंद्रीत करपाची सुचोवणी दिली कारण हातूंत फक्त 7 ते 8% जीएसडीपी आसा. गोंयांत बरीच पडींग जमीन आसा जी निश्क्रीय परिस्थितींत आसा. ह्या क्षेत्राचे पुनरुज्जीवन करपा खातीर हाचे कडेन लक्ष दिवपाक शकतात. तांदूळ, भाजीपालो, दूद आनी हेर वस्तूं खातीर गोंय शेजारच्या राज्यांचेर निंबून आसा. तांदूळ, आंबो, काजू, मिरची आनी हेर कृषी उत्पादनां खातीर सरकार आकर्शक येवजण्यो हाडून शेतकर्यांक प्रोत्साहन दिवपाक शकता. गोंयांत मसाल्याची लागवड आसून तांतूंतली कांय दोन शतका अस्तित्वांत आसात. लवंगां, जायफळ, जिरे आनी हेर सारकिल्ल्या मसाल्याच्या बांगाक

सरकारान प्रोत्साहन दिवचें. राज्यपाल श्री. मलिक हांणी फुडें शेती आदारीत उद्देगांक चालना दिवपाची सुचोवणी केली जे खातीर कोल्ड स्टोरेज आनी गुदांवाची सुविधा विकसीक करपाची गरज आसा. राज्यान शेती वेवसायांत आत्मनिर्भर जावपाक जाय हाचेर ताणें भर दिलो.

राज्यांत खणकाम बेगिनात बेगीन परत सुरू करपाक जाय अशी सुचोवणी राज्यपाल श्री. मलीक हांणी केली. सर्वोच्च न्यायालयान 88 खणींचे लीज रद्द केल्ल्यान 2018 वर्सा सावन खणकाम बंद आसा. खणकाम कायद्यांत दुरुस्ती सारकिल्या विधीमंडळात्मक पद्दती वरवीं खणींचे लीज परत दिवपाक राज्य सरकारान केंद्र सरकारा कडेन आशिल्ल्या प्रस्तावाचो जलद गतीन फाट पुरवण करपाक जाय जाका लागून 2037 वर्सा मेरेन लिजांची वाड मेळटली.

गोंयची वळख गिरेस्त संस्कृताय, दायज, वास्तुकला आनी पाकशास्त्रा पैलूं खातीर पर्यटन थळ म्हूण बदलून सरकारान पर्यटन उद्देगाचेरूय भर दिवपाक जाय अशी सुचोवणी राज्यपालानी केली. सक्रीय बाजारणी वरवीं पर्यटनाचो प्रचार जावपाक जाय आनी फ्लोटेल, गोल्फ कोर्स, यॉट, मरिना सारकिल्यो दर्जेदार सेवा खासगी क्षेत्रांच्या भागिदारीन तयार करून राज्यान दर्जेदार पर्यटकांक आकर्शीत करपाक जाय. देशांतलें पयलें कोविड-19 मुक्त राज्य थारिल्ल्यान, संवसारभरांतले एक सुरक्षीत पर्यटन थळ म्हूण गोंयचो प्रचार जावपाक शकता.

राज्यांत आयटी उद्देग, गिन्यान आदारीत उद्देग, फार्मा उद्देग सारकिल्या उद्देगांक सरकाराच्या वेगवेगळ्या येवजण्यां वरवीं अर्थीक मजत दिवन, कार्यपद्दती सुटसुटीत करून आनी एकोडे जनेल सुविधा दिवन सरकारान उद्देगांचेर भर दिवपाक जाय असो सल्लो राज्यपालांनी दिलो. राज्यांत गुंतवणूक आकर्शीत करपाक गुंतवणूक उर्बा मंडळाक घटमूट करपाची सुचोवणी तांणी केली.

गोंय एक शिक्षणीक क्षेत्र म्हूण बदलू येता अशें तांणी मुखार म्हणलें. हालीच गोंय सरकारान गोंय खासगी विद्यापीठ विधेयक मंजूर केला. आंतरराष्ट्रीय दर्ज्या प्रमाण आदारातिथ्य वेवस्थापन, नौपरिवाहन वा दर्यावर्दी कोर्स वा हेर वेवसायीक कोर्स सुरू करूंक राज्य सरकार मोट्या

संस्थांक आमंत्रीत करूं येता जाका लागून राज्यांतले गिरेस्त घराण्यांतले विद्यार्थी तातूंत प्रवेश घेवपाक शकतात. हाच्या सयत येरादारी, रस्त्यांची जोडणी, बरीं धोरणां सारकिली बरी साधनसुविधा दिवपाची गरज आसा जाका लागून दर्जेदार शिक्षण दिवपी गोंय एक शिक्षणीक क्षेत्र म्हूण लोक पळयतले.

गोंय एक वैजकी पर्यटन आनी स्वास्थ पर्यटनाची सुवात म्हूण घडोव येता अशें तांणी मुखार सांगलें. गोंयांत कितलेशेच आयुर्वेदीक आनी योग रिसॉर्टी आसात जाचो प्रचार आनी प्रसार मोट्या प्रमाणांत जावपाक जाय.

कोविड-19 महामारीच्या प्रभावाचो अभ्यास करपाक आनी गोंयची अर्थवेवस्था पुनर्जिवीत करपाक उपाय सुचोवपा खातीर राज्य सरकारान आदींच एक समिती घडयल्या अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें. समितीन आपलो प्राथमीक अहवाल सरकाराक सादर केला आनी ताचो नियाळ चल्ला. कोविड-19 महामारीक लागून गंभीर रितीन परिणाम जाल्ली अर्थवेवस्था पुनर्जिवीत करपाक शक्य आसा तितले उपाय घेतले अशें उतर मुख्यमंत्र्यान राज्यपालांक दिलें.

DI/NB/JA/KM/2020/

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA